Akashwani panaji national news 8.40 am 14th September 2026

* गणेश चतुर्थीचो उत्सव आयज देशभर व्हड भक्तीन मनयतात.

* आयज देशभर हिंदी दिस मनयतात.

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी , 21 राज्यांतल्या भाजपा फुडारपणा खाला एनडीए सरकारा 2029 पयलीं एकसारकी नागरी संहिता चालिक लायतले अशे सांगला .

* भारताचो खेलग्डो Dhiraj Bommadevara विश्वकरंड फायनलींत भांगरा पदक जिखपी पयलो भारतीय दादलो रिकर्व आर्चर थारलो

Ganesh

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी गणेश चतुर्थी निमतान लोकांक परबीं भेटयल्या.गणपती हो समृध्दी आनी शुभतायेचो प्रतीक अशें तांणी आपल्या संदेशांत म्हणलां. सगळ्यांक सुख, शांती, बरी भलायकी आनी समृध्दी मेळची अशी प्रार्थना राष्ट्रपतींनी केल्या केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सगळ्याक चव्तीच्यो हुन्हुनीत परबी भेटयला गणेश चतुर्थीचो उत्सव आयज देशभर व्हड भक्तीन मनयतात. ह्या दिसा समृध्दी आनी शुभता हांचे प्रतीक आशिल्ल्या गणपतीचो जल्म जालो . विनायक चतुर्थी वा गणेश उत्सव अशेंय म्हण्टात, लोक गणेश भगवानाच्यो मातयेच्यो मूर्ती आपल्या घरांत दवरून तांची पुजा करतात. गणेश विसर्जनाच्या भव्य कार्यावळीन हो उत्सव सोंपता, जंय गणेशाच्यो मूर्ती उदकाच्या पिंडांत बुडयतात. घरांतल्यान आनी पंडाळांतल्यान न्हंयो, तळीं वा दर्यांत भव्य मिरवणुकींनी मूर्ती व्हरतात. गणेश चतुर्थी हो मुखेल सण लोक व्हड उमेदीन मनयतात.

Birla

लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी आयज हरतालिका तीज निमतान नागरिकांक परबीं दिल्यांत. सोशल मिडियाचेर बरयल्ल्या पोस्टांत तानी , हो उत्सव सौभाग्यचें

प्रतीक आसा अशे म्हणला. पार्वती देवीच्या अखंड तप, संकल्प, आनी शिवाची उपासना हांचे कडेन हो उत्सव संबंदीत आसा अशें तांणी सांगलें. पाचव्या रंगान सजयल्ल्या सैमा मदीं तीज उत्सव सांस्कृतीक परंपरे वांगडाच सैमा कडेन संवेदनशील उरपाचो संदेश दिता हचेर तानी भर दिलो. तशेंच गौरी देवी आनी भगवान शिव हांचे कृपेन सगळ्यांच्या जिवितांत सौभाग्य, सुख, शांती, समृध्दी उरची आनी धर्तरी सदांखातीर पाचवीचार, भलायकेन भरिल्ली आनी समृध्द उरची अशीय इत्सा तानी बाल्गील्या.

Pm

BRICS फकत राष्ट्रांचो एक समूह नासून ती उपायांची एक इकोसिस्टम आसा आनी फाटल्या दोन दिसांनी जाल्ल्या चर्चांनी ह्या विश्वासाक आनीक बळकटी दिल्या अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. 'लवचिकता, नाविन्य, सहकार्य आनी शाश्वतता' ह्या विशीच्या BRICS सत्राच्या आपल्या समारोपाच्या भाषणांत मोदी हांणी आशा उक्तायली की, BRICS शिखर परिषदेंत स्वीकारिल्लें नवी दिल्ली घोषणापत्र सामायिक दृष्टिकोन आनी भविश्यांतल्या सहकार्यखातीर स्पष्ट दिशा दितलें. byte pm brics 2days. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दिल्ली शिखर परिशद उत्पादक आनी परिणामप्रधान करपा खातीर ब्रिक्साच्या सगल्या वांगडी देशांच्या फुडाऱ्यांचे उपकार मानल्यात. भारतान 12 ते 13 सप्टेंबराक ब्रिक्स शिखर परिशद घडोवन हाडली आनी तातूंत 11 वांगडी देशांचे आनी 10 भागीदार देशांचे फुडारी हाजीर आशिल्ले. नवी दिल्ली शिखर परिशद यशस्वी केल्ल्या खातीर तांणी सगळ्या ब्रिक्स राश्ट्रांची, भागीदार देशांची आनी तांच्या पंगडांची तोखणाय केली. तांच्या सक्रीय सहभागाखातीर आनी मोलादीक योगदानाखातीर प्रधानमंत्र्यानि तांचे उपकार मानले.

Pm dhanyavad byte.

Hindi day

आयज देशभर हिंदी दिस मनयतात. १९४९ वर्सा ह्याच दिसा संविधान सभेन देवनागरी लिपींत बरयल्ली हिंदी ही देशाची राजभास म्हूण आपणायली. आयज हिंदी ही संवसारांतली एक भास आनी 52 कोटी परस चड लोकांची पयली भास आसा . केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आयज नवी मुंबयंत जावपी हिंदी दिस 2026 कार्यावळी आनी 6वे

अखिल भारतीय राजभाषा सम्मेलन हाजीर रावपाचे आसात. दोन दिसांच्या हे परिशदेंत विद्वान, साहित्यकार, शिक्षणतज्ञ, संसद वांगडी, वरिश्ठ सरकारी अधिकारी आनी वेगवेगळ्या मळां वयले नामनेचे व्यक्ती एकठांय येवन भारतीय भाशां कडेन ताचो समन्वय करपा विशीं विचार करतले.

shah

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी , 21 राज्यांतल्या भाजपा फुडारपणा खाला एनडीए सरकारा 2029 पयलीं एकसारकी नागरी संहिता चालिक लायतले अशे सांगला .मुंबयंत पत्रकारां कडेन उलयतना गृहमंत्र्यांनी , जायत्या राज्यांनी यूसीसी लागू जाल्या आनी 2029 पयलीं भाजपा-एनडीएच्या 21 राज्यांनी ही संहिता सुरू जातली असो तांकां विस्वास आसा. भारतीय न्याय संहिता वरवीं सरकारान देशांतली न्याय वेवस्था घटमूट केल्या अशें सांगून जायत्या राज्यांनी एकाच वर्साच्या काळांत दोशी थारावपाच्या प्रमाणांत 30 टक्क्यांनी वाड जाल्ल्याचो दावो केला. तीन वर्सां भितर न्याय मेळचो हे खातीर वेवस्था स्थापन करपाचें काम सुरू आसा अशेंय गृहमंत्र्यान सांगलें. Civil code byte राश्ट्रीय सुरक्षा विशीं मंत्री शाहा हानी 370 आनी 35 अ कलम रद्द येशस्वीपणान साध्य जालां अशें सांगून काश्मीर आतां भारता कडेन पुरायपणान एकठांय जालां अशें तांणी स्पश्ट केलें. Byte 370

सर्जिकल स्ट्रायक, हवाई हल्लो आनी ऑपरेशन सिंदूर हांणी आतंकवादाचेर शून्य सहिश्णुताय धोरण स्थापन केलां अशे तानी मुखार सांगले .

Oman india

काल ओमान दर्यादेगेर MT EL Gaia ह्या वेपारी जहाजाचेर जाल्ल्या हल्ल्याचो भारतान निशेध केला. ओमानांतल्या भारतीय दूतावासान एका निवेदनांत , आतां मेरेन 13 भारतीय खलाशी सोडयल्यात, जाल्यार बेपत्ता जाल्ल्या एका भारतीय नागरिकाचो सोद आनी बचाव कार्यावळ चालू आसा अशे कळयला . चालू आशिल्ल्या सोद आनी बचाव कार्यावळींत परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरतात आनी ओमानाच्या अधिकाऱ्यां

कडेन समन्वय करतात अशें दूतावासान सांगलां. तशेंच भारतीय नागरिकांक सोडवपा खातीर ओमानी अधिकाऱ्यांनी दिल्ल्या आदाराचे उपकार मानले. तणाव बेगोबेग उणो करपाचो आनी ह्या वाठारांत शांतताय परतून हाडपा खातीर संवाद आनी मुत्सद्देगिरी करपाचो उलो भारतान परतून मांडलो. वेपारी जहाज येरादारी, दर्यावेल्यान वचपी, नागरीक आनी नागरी मुळाव्या साधनसुविधांचो लक्ष्य करप मान्य ना अशें म्हणलां. तशेंच मुक्त आनी सुरक्षीत येरादारीची आनी ह्या वाठारांतल्या आंतरराश्ट्रीय उदकामार्गांतल्यान वेपाराचो प्रवाह बेगीन सुरू करपाचो उलो दूतावासान केला.

Shah

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या लोकसेवेच्या प्रवासाक 25 वर्सां पुराय करपा खातीर आनी भौशीक सहभागांतल्यान 2047 मेरेन 'विकसित भारत' उबारपाचो संकल्प घटमूट करपा खातीर 17 सप्टेंबर ते 17 ऑक्टोबर मेरेन म्हयन्याभर चलपी 'सेवा संकल्प अभियान' जाहीर केला. मुंबय पत्रकार परिशदेंत उलयतना मंत्री शाह हाणी , ही मोहीम भाजपा, एनडीएचे भागीदार, स्वयंसेवी संघटना आनी देशभरांतले नागरिक हांणी घडोवन हाडटले अशे सांगले. दरेका राज्य आनी केंद्रीय प्रदेश, जिल्लो, लोकसभा आनी विधानसभा मतदारसंघ आनी बूथ हांगा ही मोहीम राबय्तले.

Imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज गुजरातात उतन्गाराचो पावस पद्पाचो अदमास उक्त्याला अनि orange अलर्ट जारी केला. तशेंच ह्या दिसा हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, उदेंत राजस्थान आनी मध्य महाराष्ट्रात घोग्पायांनी पडपाची शक्यताय आसा.

Sports

पयल्या क्रमांकाचेर आशिल्लो भारताचो Dhiraj Bommadevara मेक्सिकोंतल्या साल्टिला हांगा जाल्ल्या शूट ऑफांत जपानाच्या Nakanishi Junya हरोव्न विश्वकरंड फायनलींत भांगरा पदक जिखपी पयलो भारतीय दादलो रिकर्व आर्चर थारलो

Partun ek favt aycho mukhel khabro

* गणेश चतुर्थीचो उत्सव आयज देशभर व्हड भक्तीन मनयतात.

* आयज देशभर हिंदी दिस मनयतात.

* केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी , 21 राज्यांतल्या भाजपा फुडारपणा खाला एनडीए सरकारा 2029 पयलीं एकसारकी नागरी संहिता चालिक लायतले अशे सांगला .

* भारताचो खेलग्डो Dhiraj Bommadevara विश्वकरंड फायनलींत भांगरा पदक जिखपी पयलो भारतीय दादलो रिकर्व आर्चर थारलो

Ani itlyan hyo rashtriy khabro soplyo. Mukhavele rashtriy khabrapatr tumka ayj sanje 6 vra 30 minitani aykunk meltale namaskar